# समाज कल्याण खात्यावतीन 17 वरिश्ठ नागरीकांचो सत्कार

ता. 1 ऑक्टोबर 2018
9 आश्विन 1940

आंतरराष्ट्रीय वरिश्ठ नागरीक दिसानिमतान आयज समाज कल्याण खात्यान पणजेच्या हॉटेल फिदाल्गोत आयोजित केल्ल्या कार्यक्रमात गोंय विधानसभेचे सभापती श्री. प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकीं समाजाखातीर मोलादीक योगदान दिल्ल्या राज्यातल्या 17 वरिश्ठ नागरीकांचो शाल, श्रीफळ आनी यादस्तीक भेटोवन भोवमान केलो.

समाजकल्याण सचिव श्री.डब्ल्यू.व्ही.आर.मूर्ती, समाजकल्याण खात्याचे संचालक श्री.एस.व्ही.नाईक, उपसंचालक श्री. सांतान फर्नांडिस आनी पालवी संचालक श्री. सुदेश गावडे हेवूय माचयेर हजर आशिल्ले.

वरिश्ठ नागरीक श्रीहरी एस.एन.कुराडे, कॉज्मे डी.पी.उर्फ बातू रॉड्रीग्स, सुरेश शिवराम कामत, आल्विनो जुझे आंतोनियो फ्रांसिस्को झेवियर द कुन्हा, रामचंद्र एस.एस.वागळे, श्रीमती एस्पेरंका रॉड्रीग्स, लुईस जुझे रेमेडीओ मोन्तेरो, विलास एस. सुर्लकर, प्रमोद हरी पै धुंगट, बाबल टी.गांवकर, श्रीमती नलिनी पांडुरंग नाईक, श्रीमती सविता एस.बोडके, श्रीधर गोकुळदास वेरेंकर, शांताराम कृष्णा परब, मधुकर यशवंत मठकर, सुहास बी. नाईक आनी पांडुरंग अर्जुन कामत हांचो भोवमान केलो.

हयावेळार उलयताना डॉ. प्रमोद सावंत हांणी वरिश्ठ नागरीक दिसानिमतान ज्येश्ठ नागरीकांक परबी भेटोवन ज्येश्ठ नागरीक आमचे खातीर प्रेरणा आशिल्ल्याचे सांगले. खूपवेळा ज्येश्ठ नागरीकांक एकाकी जीण जगची पडटा. जाण्टे पिरायेचेर तांका आदराची गरज आसता. पूण आयज पिळगेमदी अंतर निर्माण जाल्ल्यान ती तांका मेळप कठीण जाला. सरकारान अशा नागरीकांखातीर उम्मीद केंद्रा स्थापन केल्ली आसा आनी अशा केंद्रातल्यान वरिश्ठ नागरीकांची योग्य काळजी घेतात, अशेंय तांणी सांगले.

सुरवेक एस.व्ही.नाईक हांणी येवकाराचे उलोवप केले आनी निमणे श्री. फर्नांडिस हांणी उपकार मानले.

मा/सप/टीएसएस/जॉआ/विगां/सुसुका/2018/1606